**उणाक दर्ज्याचो शेव चिवडा, काजू आनी पालक चकली उत्पादक आनी विक्रेत्याक दंड**

ता. 16 एप्रिल 2025

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यानी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याखाला उणाक दर्ज्याचो शेव चिवडा, काजू आनी पालक चकली उत्पादक आनी विक्रेत्यांआड केल्ल्या कारवायेच्या प्रकरणांत उत्तर गोंय अतिरिक्त जिल्होन्यादंडाधिकारी तथा न्याय अधिकाऱ्यान निवाडो दितना अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याचे उल्लंघन केल्ले खातीर उत्पादक आनी विक्रेत्यांक दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

उणाक दर्ज्याचो आनी सिंथेटीक कलर वापरून तयार केल्लो मिक्स शेव चिवडा उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर दामाजी के. म्हावळणकर (उत्पादक) आनी मे. महाविर बालाजी स्विट मार्ट, आल्त पर्वरी हांका एक लाख रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

लेलेस काजू नावान उणाक दर्ज्याचे काजू उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर प्रकाश मे. गोवा काजू डेपोचे मालक प्रकाश बिश्णोई आनी जयराम बिश्णोई, उमतावाडो कळंगूट हांका दोन लाख रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

तशेंच दुसऱ्या एका कारवायेच्या प्रकरणात उणाक दर्ज्याची पालक चकली उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर मे. जननी फुड प्रॉडक्टस, कुंद्रापूर उडपी, कर्नाटक हांका 20,000/- रूपया जाल्यार प्रभू ट्रेडर्स, बांबोळी आनी मुकेश राजपुरोहित ओम साई जनरल स्टोअर, ताळगामव हांका दर एकी 10,000/- रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/358

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.